भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# इजायास फुडार पळयता



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

इजायास एक संदेष्टो आशिल्लो. ताचें काम म्हळ्यार देवान सांगिल्लें, लोकांक सांगप.



लोकांक सदांच देवाचें उतर आयकुपाची इत्सा नाशिल्ली, पूण इजायासान देवाक केन्नाच निराश केलो ना. चार वेगवेगळ्या राजांच्या काळांत इजायासान प्रचार केलो.



उजिया राजान जेरुसलेम शारासावन जुदाच्या देशाचेर राज्य केलें. सुरवेक देवान उज्जियाक आशीर्वाद दिलो कारण ताणें सर्वेस्पराच्या नदरेक बरें केलें. पूण उज्जियान अभिमान बाळगून देवाची आदन्या पाळपाचे बंद केलें. तो कुश्ठरोगी जालो आनी ताका मरण येमेरेन एकटोच रावचें पडलें.



उज्जिया राजान ६० वर्सां वयर राज्य केलें. तो मेलो तेन्ना ताचे सुवातेर ताचो पूत जोथम हाणें सतरा वर्सां राज्य केलें. देवान जोथामाक आशीर्वाद दिलो कारण ताणें इजायास आनी हेर संदेष्ट्यां वरवीं देवान सांगिल्लें आयकलें.



राजा जोथमाचो पूत आहाज. आहाज राज्य करपाक लागलो तेन्ना तो वीस वर्सांचो आशिल्लो आनी जेरुसलेमांत सोळा वर्सां राज्य केलें. आहाजाक देवाची कांयच पर्वा नाशिल्ली.



ताणें मूर्ती आनी खोट्या देवांची पुजा केली आनी देवाच्या
जायत्या लोकांकय तशें करपाक फुडाकार दिलो.
इजायासान ताका शिटकावणी दिली
तरी आहाज देवाच्यो शिटकावणी
आयकनाशिल्लो. फकत ३५ वर्सां
पिरायेचेर ताका मरण आयलें.





देवान फुडल्या राजाक हिजकियाक आशीर्वाद दिलो, कारण ताणें सगळ्यो मूर्ती आनी खोटे देव काडून उडयले आनी खऱ्या देवा कडेन मागणें केलें. दुस्मानाच्च्या सैन्यान जुदाचेर हल्लो केलो तेन्ना हिजेकियाक कळ्ळें की ताची सैन्य जिखपाक सामकी दुबळी आसा. ताणें इजायासाक देवाचो आदार मागपाक सांगलें.

इजायासान हो संदेश राजाक धाडलो. “हें सर्वेस्पर म्हणटा: ह्या दुस्मानाक भियेवंक नाका ... हांव ताका उडयतलों ...” रोखडेंच देवान दुस्मानाच्या सैन्याक हिजकिया कडेन झुजनासतना भायर काडलें.



ताच्या भोंवतणच्या
लोकांनी देवा
विशीं चड
विचार केलो
ना तरी
इजायासान
ताचे



विशीं खूब विचार केलो.
एक दीस ताका एक
दर्शन आयले, जी एक
तरेची न्हीद नासतना
सपन पळोवपा सारकी.
त्या दर्शनांत
इजायासान
पळयलें
की सर्वेस्पर
कितलो
वैभवशाली
आनी पवित्र
आसा.

“कोणाक धाडचो?” देवान दर्शनांत विचारलें. “हांगासर हांव. म्हाका धाड” इजायासान जाप दिली. देवान सांगिल्लें तें करपाक, आनी देवान ताका धाडटा थंय वचपाक तो तयार आशिल्लो.





घडये इजायाक दिसलें की देव ताका देवा विशीं आयकूंक नाशिल्ल्या पयसुल्ल्या लोकांशीं धाडटलो. पूण ना, देवान तशें केलें ना.



देवान इजायासाक आपल्याच देशांतल्या आपल्याच लोकां कडेन उलोवंक सांगलें. तांकां सांगचें पडलें की देवाक तांच्या पातकाचेर राग आयला.



इजायासान आपल्या लोकांक सांगपाक जाय आशिल्लीं
आनीक गजाली आशिल्लो – एक बळवंत सोडवणदार
जावन तांकां पातकांतल्यान आनी सगळया दुस्मानां कडल्यान
वाटावंक येतलो
अशा मनशा विशीं
अद्भुत
गजाली.



ज्यू लोकांनी ह्या मनशाक “मेसियास” अशें म्हणलें. देव मेसियासाक धाडटलो अशी तांची अपेक्षा आसली तरी तो केन्नाच येवचो ना अशें जायते लोक जियेले.






इजायासान
मेसियासा विशीं
सांगिल्लीं सगळीं
गजालीं ताच्या
पुस्तकांत बरयल्यांत.
हीं गजाली घडच्या
शेंकड्यांनी वर्सां
आदीं ताणें बरयल्लीं
तरी इजायासान
मेसियासा विशीं
सांगिल्लें सगळेंच
साकार जातलें.

इजायायासान सांगलें की देव स्वता एक चिन्न दितलो. ताणें म्हणलें,



“पळे, एक कुमारीक एक पूत जातलो आनी ताका इमान्युएल नांव दवरतले.”



लोकांक कळ्ळें की इजायास देवाच्या मेसियासा विशीं उलयता कारण एक बायल कुमारीक भुरगें जावंक शकना. तशेंच, इमान्युएल नांवाचो अर्थ आमचे वांगडा देव!



“कारण आमकां भुरगें जल्माक आयलां, आमकां एक पूत दिला; आनी शासन ताच्या खांदार आसतलें. आनी ताचें नांव अद्भुत सल्लागार, पराक्रमी देव, सासणाचो बापूय, शांतीचो राजकुंवर म्हणटले.” देवाचीं उतरां साकार जातलीं हाची इजायाक इतली खात्री आशिल्ली, ती घडणूक पयलींच घडल्या भशेन तो उलयलो. हाका भाकीत म्हण्टात.

इजायायासान म्हणलें की मेसियास व्हड जातलो आनी
व्हड व्हड कामां करतलो. तशेंच देवान इजायायासाक सांगलें की
मेसियासाक त्रास सोंसूंक पडटलें आनी ताका मरण येतले.
मेसियास व्हड आनी बळिश्ट आनी तशेंच दुबळो आनी जखमी
कसो जावंक शकता असो प्रस्न इजायायासाक
घडये येतालो. पूण इजायायासान देवा
कडेन वाद घालो ना – ताणें फकत
देवान सांगिल्लें तें परतून सांगलें.
देव आपली भाकीत खरी जावची
हाची खात्री करतलो.



मेसियास येतलो – फकत ज्यू लोकां खातीर न्हय. देवान इजायायासाक सांगलें की मेसियास “विदेशी लोकांक उजवाड” जातलो. विदेशी लोक म्हळयार संवसारांतले सगळे लोक जे ज्यू न्हय. देव सगळयांचो मोग करता आनी ताचो मेसियास सगळयांक आशीर्वाद दिवपाक आनी पृथ्वीच्या शेवटाक सोडवण हाडपाक येतलो.



इजायास फुडार पळयता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

इजायास १,६,७,९,५३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16